चंद्रहास

संगीत नाटक

बोळंतूर कृष्ण प्रभू
बंटवाळ

003962 - AD
L:B01-A05 (Rev. Ad)

चंद्रहास

(संगीत नाटक)

मूळ कन्नड लिपयेंत :

बोळंतूर कृष्ण प्रभू, बंटवाळ

देवनागरीत लिपयांतर :

डॉ. गीता शेणै

CENTRE

गोवा कोंकणी अकादेमी

चंद्रहास
(संगीत नाटक)

मुळ कन्नड लिपयेंत :
बोळंतूर कृष्ण प्रभू

देवनागरींत लिपयांतर :
डॉ. गीता शेणै

प्रकाशन क्र. : 156

© गोवा कोंकणी अकादेमी

पयली उजवाडावणी : 2011

उजवाडावपी :
गोवा कोंकणी अकादेमी
243, पाटो कॉलनी,
पणजी – गोंय

छापपी :
स्वर्णमुद्रा प्रिंट्स
माशेल – गोंय

मुखचित्र :
श्रीधर कामत बांबोळकार

मोल : रु. 40/-

Chandrahasha
(Musical Drama)

Original in Kannada Script :
Bolanthur Krishna Prabhu

Translitration in Devanagari :
Dr. Geeta Shenoi

Publication No. : 156

© Goa Konkani Akademi

First Edition : 2011

Publisher :
Goa Konkani Akadami,
243, Patto Colony,
Panaji, Goa

Printer :
Swarnamudra Prints,
Marcel, Goa

Cover :
Shridhar Kamat Bambolkar

Price : Rs. 40/-

हें पुस्तक गोवा कोंकणी अकादेमीच्या 'लिपयांतर येवजणेखाला' छापलां.

अकादेमीचे वतीन

संवसारांतले दर एके भाशेंत जेन्ना जेन्ना खंयचोय साहित्य प्रकार पयलेच खेप लोकांमुखार येता आनी लोक त्या प्रकाराक वेगवेगळ्या माध्यमांतल्यान मान्यता दितात तेन्ना तो साहित्य प्रकार मागीर ते भाशेंतल्या त्या साहित्य प्रकाराचो मैलाचो नीस थारता.

जें जें कितें पयलें म्हणून आसता ताका इतिहासीक महत्व येता आनी देखून त्या साहित्य कृतीचो येतल्यो पिळग्यो उगडास करतात.

कोंकणी भास संवसारांतली थोड्याच जनतेची एक ल्हानशी भास जरी जाली तरी साहित्य निर्मिणेत जावं प्रतिभा व्यक्त करपाचे धाटणेत खंयच उणी ना हें आता सिद्ध जाल्लें आसा.

कोंकणीत नाटक बरोवपाची चाल पयलीं केळयली त्या नाटककाराचो उगडास करप आनी ताणें निर्मिल्ले ताचे नाट्यकृतीचो भौमान करप ही आमची लागणूक थारता.

'चंद्रहास' हें कोंकणी भाशेंतलें पयलें वयलें नाटक स. बोळंतूर कृष्ण प्रभू हांणी कर्नाटकाच्या बंटवाल वाठारात बरयलें आनी कोंकणी नाटकांच्या प्रवासाक सुरवात जाली. ह्या पयल्या नाटका उप्रांत तांणी सेमीग 'भक्त प्रल्हाद,' 'ध्रुव चरित' सारखीं आनीक कोंकणी नाटकां बरयली आनी खऱ्या अर्थान कोंकणी भाशेंतल्यान कोंकणी नाटकां त्या तेंपार कोंकणी समाजाक भेटयली. तेन्नाच्या कलाकारांनी तांचे प्रयोग केले आनी कोंकणीतलीं प्रयोगक्षम नाटकां म्हणपाची ख्याती प्राप्त केली.

1912 वर्सा 'चंद्रहास' नाटक बरयलें ते घडणूकेक अंदू शंबर वर्सां भरतात आनी खऱ्या अर्थान हें वर्स कोंकणी नाटकाचें शताब्दी वर्स थारता आनी आमी तें वर्स मनयतात. तें मनयतना 'चंद्रहास नाटक' ह्या मूळ कन्नड लिपींतल्यान कोंकणी नाटकाचें लिप्यान्तर करून तें देवनागरी उजवाडाक हाडपाचो सुयोग गोवा कोंकणी अकादेमीक लाबला.

स. बोळंतूर कृष्ण प्रभू हें कोंकणीतले आद्यपुरुष शणै गोंयबाब हांगेले समकालीन, होवूय एक योगायोगूच म्हणूक जाय. गोवा कोंकणी अकादेमीक 'चंद्रहास नाटक' देवनागरी लिपींत उजवाडा हाडपाची संद तांच्या घरच्यांनी दिली देखून गोवा कोंकणी अकादेमी तांच्या घरच्यांची उपकारी आसा.

एन्. शिवदास

अध्यक्ष, गोवा कोंकणी अकादेमी

ॐ

प्रथमाध्याय

वृत्त

श्री शेषाचलवास वेंकटपती श्री लक्ष्मीनाथा सदा।
दासाल्या हृदयाक भक्तिधन ते दी दान मुक्तप्रदा।।
दोषांतूनतिदूरक रि कृतिहीदोषाद्रि वज्रायुधा।
हे सर्वांतरयामी कृष्ण प्रभू तूं सुक्षेमदी सर्वदा।।

सुत्रधार : (पद. राग : जलधिसंभवे पालिसु।। ताळः धुमाळ.)

गरुड वाहना वंदना। मुरमर्दना ।। पल्लवी।।
वेद उद्धारकोनु। साधनी कूर्मु जावनु।।
भूधरु म्होंणोनु प्र। ह्लादाक राकिल्ल्या।।1।।
घेवनु भूदान वग्गि। दिवनु भूदेवांलाग्गी।।
चोवनु सुग्रीवाक्मन। पावनु राकिल्या घन।।2।।
कपटि कंसाक मार्नु। त्रिपुर स्त्रीयांक चोवनू।।
अपरूप व्रत तुवें। अपहार कऽर्निवें।।3।।
सृष्ठी भृष्टली म्होणू। श्रेष्ट घोड्यारी चोणू।।
दुष्टांक शिक्षा दीवनू। शिष्टांक राक्तल्या।।4।।
अबली दासाक पूर्ण। अभय दीवनुदिन[2]।।
अभय मुरुति कृष्ण। प्रभू कऽरी रक्षण।।5।।

(पद. राग : कमलांबन ताळ । त्रिताळ)

विघ्नेश्वरा। वंदन उदारा।। पल्ल।।
सिंधूर वर्णाच्या। विंद्रारी बस्तल्या।।
चंद्रालो हंकारु। खंडन केल्लेल्या। विघ्नेश्वरा।।1।।
पाशांकुशधारी। दोष क्षमाकऽरि।
हे सुक्षेमानिधि। दासाकभयदी। विघ्नेश्वरा।।2।।

भक्ती पुरस्सर भगवंताली भजन केल्या वरी जाल्ली. आत्तं गुण ग्राही जावनास्सिल्या ह्या सभासदांलाग्गी मेग्गेली प्रार्थना इतें मळ्यारी

(साकि)

दोषभरीत ही कृति म्होणि भारी। दूषण कोर्नाक्याती ॥
भाषासेवेचो उद्देशुची विशेष म्होणू लेक्काती
दोष कर्या दूर। शेष सुगुण घेय्या चतूर ॥1॥

आनी नटीक आपोनू नाटकाची तय्यारी कोरुंक सांग्तां.

(पद. राग : अरसीक कितीहासेला । ताळः दीपचंदी.)

योगो सुंदरीं तूं वद्रारी।
बरी। दीगू[1]। सृंगारू तो कऽरी माग्गीरी ॥1॥
भारी तोडोवु[2] केल्यारी
स-ब्बार सभासद कोप्ती[3] ताम्चेरी ॥2॥

नटी : (येवनू) येवचाक चिक्के तोडोवू जाल्लो, क्षमा कोर्का.

सूत्रधार : कारण इत्ते?

नटी : आमगेल्या ह्या केरळ देशांतू वैन्यानी येवनू मुत्तिगा[4] घाल्या खयिं.

सूत्रधार : छे! आमगेलो मेधावि रायू म्हळ्यारी वैरी निद्दांतू आंग काड्ताती तस्सले कडे ताज्जेरी युद्धाक येत्तलो कोणू? कोणें सांगिलें हें तुक्का? सर्व फट्टि.

नटी : (पद. राग : भूपति खरेते। ताळ : ऐकताळ)

चल्लेली स्थिती ही पूर्णघट्टी म्होणयीं।

---

1. दीगू = लांब
2. तोडोवू = विलंब
3. कोप्तीत = रागार
4. मुत्तिगा = घुरी

रण । मल्ल वैन्यांन्नी घाल्या मुत्तिगा थयीं।।
(चाल) धुरधीर सर्वयी धावनु गेल्यातीं
रणभेर्यो वाच्चूनू वावनू वेल्याती।।
स–ब्बार इत्याक भारी वीरू रायूयी।
अती । घोर सैन्य समेत गेल्ला खैं थयीं।।1।।

सूत्रधार : ओहो! मेधावि रायाक मूल नक्षत्राच्या अरिष्ठांशारि[1]। एक चेल्या चर्डुं जाल्लां. तें रायाक अनिष्टकर म्होणु जाणत्यानी मळ्ळेली खब्बर वैरी आयकुनू आयल्यूतिकी इत्की? 'ग्रहचार वायट जाल्यारी बश्सिलि माणयिंची येद्राक[2] राब्ता.' जाव्वो तूं वऽ च. हांव सर्ववर्तमान समजुनू येत्तां.

नटी : जायत

(नटी वत्ता. एकी म्हांतारी येत्ता.)

म्हांतारि : (पद. राग : हेंगे काल कळेयलि बुद्धि । ताळ : ऐकताळ)

चिंतेचे विस्तारपट्टण। म्हांतार्पण ।। पल्लवी।।
म्हांतारेक वाट्टेरी। होंतगार[3] चोयल्यारी।
दांत सोणू । निंदा कोर्नु । पंथु मेर्सिंताती।[4] येवनू ।।1।।
दुड्दु नात्तिलें हात्तांतू । हाड्डां जोरोन वत्तांतू।
बुड्डिधोर्नु – गुड्डि जाल्लीं उड्डुनुड्डु चमकून मेल्लीं।।2।।
इष्ट माक्का भोंवचांतू। दृष्ठि मंद काळ्कांतू।
मुष्टिं भेत – फाट्टिर्वता। कष्ट कोणां कळऽत।।3।।

सूत्रधार : आज्जि! खंयिं भार सर्ली?

म्हांतारी : म्हांतारन्यांनी वोच्चे खयिं? तुक्का गोत्तुनावें[1]?

सूत्रधार : कळ्ळें, तुक्का कितलीं वर्स जाल्लीं आज्जे?

म्हांतारी : इत्तें प्रयोजन? मेज्जेसली। कष्टी जिवांक आयुष्य वृद्धि. तो मेधावी

1. अरिष्ट = संकश्ट 2. येद्राक = सामकार, मुखार 3. होंतगार = बळीश्ट
4. पंथु मेर्सितांति = आव्हान दित्तायं

राय पळे! सर्व सुख बोगचो आनी सर्व राज्य प्रितीन पालन कोर्नु सर्वंकयी जायी जाल्लोलो
युद्दांतु गेल्लो खयिं.

सूत्रधार : बद्दऽ वे?

म्हांतारी : आत्तं आयकलीं मात्र हांव. मेधावी रायिली बायल भारी पतिवृत्ता. ती आनी जिवू दवोर्नु घेशिना. रायाक एक चेल्या चर्डुं आस्स. हावें युद्दोळुतायी तांगेलें घर्ल्यागी आश्शिल्याक, ते चर्डाक घेवनू खंचेयी ऐक दूर गांवातू वोच्चुनू राबता म्होणू आयल्या.

सूत्रधार : ह्या कार्यांतू तुक्का दैवसहाय मेळतलो.

म्हांतारी : येत्ता हांव.

सूत्रधार : जायत
(दोग्गयिं वत्ताती)

●●●

1. गोत्तुनावें = खबर ना कितें

उपवन

(मेधावी रायाली बायल येत्ता)

राणी : (पद. राग : पापि जन्मवेतकिंतु। ताळः दादरा)

व्यर्थ जाल्लो जन्मु आजी। मार्तांडाना स्वाथरिवनू ।।पल्लवी।।
भुंय्चेरी विधवा जावनू। हांचे तांचे पायुधोर्नु।।
वंचनेरी दीस काणू। वांचूनू कस्सलो मानू।।1।।
दुष्टाले हत्तांतू पोणू। भ्रष्ट जावचे बद्लाक प्राण।
नष्ट कोर्नु घेवचो गुणू। कष्टांतक्कुनू। सुंटुनू।।2।।

हे देवा! तुंवें बुड्डोवचे खात्तिरिची तारुं निर्माण कल्लेल्लें व्हंयि जाल्यारी, तस्सीची बुडैनात्तिलें निरपराधी इतरांकयि तांतू इत्याक भर्लीं? आनी सब्बारु वेळू हांवें हांगा बसल्यारी वैन्यांक कळऽत मेज्यांतू पातीवृत्य आस्स व्हयी जाल्यारी मेग्गेले चर्डाक बरें जाव्वो!
(राणी वत्ता. म्हांतारी चर्डाक घेवनू येत्ता.)

म्हांतारी : (पद. राग : कांतने श्रीमंतने । ताळः आदिताळ)

यद्दोळुयी सोद्दुनुयीं । सुद्धि कायीं कळ्ळिंना।।
बद्दाक ऽ यि राणी खंयिं। गेल्ली म्हळ्ळेलें कळ्ळेंना।।1।।
बुद्धि सांग्तली जावनू राणीयेद्दे सान चर्डाक।।
निद्दल्लेलेकडे सोणू वोच्चाक। सिद्धजाल्लि इत्याक।।2।।
श्रेष्ट मेधावीली प्रितीची पाट्टाचिराणी ती न्हवें।
कष्टम्हळ्ळेले जायत धोर्नु। दृष्टीन ती चोयल्यावे।।3।।

आनीक हावें हांगाची राब्ल्यारी वैन्यांले दूत येत्तीत.

(पड्दो पड्ता)

मार्तांड राजसभा

मार्तांड : (पद. राग : संततं सुखवंतळादेने। ताळः दादरा)

वीर मंत्री वग्गी सर्वयी। जय भेर्यो मारयी।। पल्लवी।।
धीरु हावं आजिधोर्नु। पुरा राज्याक राय म्होणू।। अ. पल्लवी।।
व्याज्य कोर्नु आजी सर्व। राज्य गेल्वुनू[1] ।।1।।
मेज्जेसम पराक्रमान।। पुज्यु कोणै नांची म्होणू।।1।।
दुष्टवैरी नष्टजाल्ले। सृष्टीरी पर।। मेष्टि जनकू
कृष्णान सं।तुष्टि दिल्ली इष्टानाम्कां।।1।।

शाभास मंत्री! सर्वतंत्र प्रवीणू जावनाश्शिलो तूं आनी युद्ध चमत्कारांतू बुद्धिवंतू जावनाश्शिलो हो सेनाधिपती – दोग्गयीं, एक्क लेक्काचे माक्का मेळ्ळेले मेग्गेले पुर्व पुण्यानंऽ यी.

मंत्री : रणपंडीत जावनाश्शिलें तुमगेलो सहवासुची आमकां इतलें शौर्य येवच्याक कारण. रामचंद्राले सहवासान अती बल्याढ्य राक्षसांक गेल्वुचें सत्व मांकडांक येनिवें?

मार्तांड : तुग्गेल्या पदवीक तक्क[2] उत्रां हीं. न्हयवें सेनाधिपती?

सेनाधिपती : मंत्रीन सांगिलें निजऽ चि. भीष्म द्रोण इत्यादी वीर सहायक आसुनुयीं कौरवांक जय मेळ्ळेवें? कारण – राय जावनाश्शिलो कौरवू बुद्धिहीनू.
(एक सेवकू येत्ता)

सेवक : रायांक जय जाव्वो!

मंत्री : विशेष वर्तमान इत्तें?

सेवकू : मेधाविल्या बायलेन अग्नि प्रवेशू केल्लो खंयिं.

1. गेल्वनुनू = जिसून   2. तक्क = फावो सारकीं

मंत्री : मेधाविले चेल्या चर्डाले वर्तमान काहि कळ्ळावे?

सेवक : चर्डाक एकी म्हांतारी घेवनु गेल्ली म्होणु मण्ताती

मार्तांड : मंत्री! त्या चर्डाक सोढ्ढुनू हाडोचिं प्रयत्न आत्तुऽ ची कोर्का!

मंत्री : जायत

(पड्डो पड्ता)

कंतूळ राजमार्ग

(म्हांतारी निद्दल्या)

चंद्रहास : (पद. राग : कांबोधि भक्त सुरतरुलते । ताळ : झुंपा.)

धन्यतूं – धन्यतूं।। धर्म प्रतिमा।
पुण्यहिनांकनीक। सोंणयी दीक्षमा।। पल्लवी।।
क्रोधू पावचाक अप।। रादू केल्लोलो न्हयी।।
दिदयादान वुल्लयी चोयी।।
ह्या दीन किंकरा।। आधारू कोणनीक।।
साधुगूण सर्वयी दाक्कोनू चलयी ।।1।।
नित्ययी हांणू तूं।। दित्ताली जीवने।
कुत्तमोत्तम भक्ष–फळ प्रीतीन।।
इत्याक तूं आजी। उत्तरेकुलैना।।
नात्तिलें मौन घेवनशिश चोयना।।धन्यतूं।।2।।

म्हांतारी : अय्यो बाळा। मेज्जान आजी कायी नज्ज. तुग्गेलें अदृष्ठ तस्सलें, एकयी रायपुत्ताक ही स्थिती येवचिवे? अय्यो! नारायण! नारायण! (म्हांतारी मेल्यावरी पड्ता)

चंद्रहास : (पद. रागः नड्डगाडोळ्ु बिड्डतेन्नन्तु । ताळ – रूपक.)

हरी हरी हरी। ही रक्षकी। मरण पावनाजी।।
परदेशी जाल्लो आनी। परिपालकू तुंची।।1।।
शरणागत रक्षकू म्होणी। बिरुदाशिहिलो जावनू।।
बरी दिना–चेरी कोपलावे। करुण तें सोणू।।2।।
धन्य हिग्गेलें सद्‌ण। पूर्ण पवित्र।।
वर्णन कोरुंक जायना। पुण्य चरीत्र।।3।।

यद्दोळ्ुतायी हिणें माक्का माग्गुनू जाल्यारियी हाणू रक्षण केल्लो.

आन्नी मुखारी कोणांतयी वोच्चें? देवा! तुंची राख.
(पडदो पडता. चर्के खेळूंक येत्ताती)

राम : (पद. राग : अरसिक किती हा शेरा । ताळः दीपचंदी.)

राम : **सक्कड चेल्ले यय्यात्ति ।।पल्लवी ।।**
वग्गी। अक्कोलुचिक्कोलु। खेळ्या चोय्याति ।।अ.पल्ल ।।

मुद्दा : **खेळचा जाल्यारी आप्नैता ।।**
हो। खावचाक मेळ्यारीवग्गी निप्पैता ।।1 ।।

भीम : **मुद्दाक बुद्धी ना खेळची ।।**
दुसऱ्या। कुद्धार कोर्च्याका सुद्धिची खावची ।।2 ।।

चंद्रहास : **सोडी ती खब्बरित्याक**
वग्गी काडी चिल्ल्यांतुल्यो[1] गुळियो खेळचाक ।।3 ।।

राम : गुळ्येनी नाक्का. अक्कोलू चिक्कोलू खेळ्यां.

मुद्दा : नाका गुळ्येनिचीं खेळ्या (खेळ्ताती).

चंद्रहास : (सालिग्राम कांणू) पळया! पळया!
(पद. राग : कंदसारो इंदुगुरू । ताळः अष्टताळ.)

मेळ्ळी मेळ्ळी एकी गुळी। पळ्ळेली भारी काळी ।।पल्लवी ।।
व्हळ्ळी खेळूं। जाल्ली म्होणी। काळ्ळी हावें उल्लासारी ।।1।।
मोल्लाक मेळची न्हयी। केल्यारी चावची न्हयी ।।
गुल्लेवरी। जाल्या नय। मेळ्ळेली हें एकाश्चर्य ।।2।।

राम : पोळोया, मेग्गेले गुळ्येक जोडी जायतवे?

चंद्रहास : जायन खंचाकै जोडी तिनी गुळ्येंकै जडी ।।
दिना हांवही। कोणांकयी। घेना बद्लाक खंचीयी ।।3 ।।

राम : भट्टानी पुजा कोर्चि गुळिरे ती आम्का नाक्का.

चंद्रहास : जायत. ती तुम्कां नाक्का. मग्गेले तोंडांतू आस्सो!

मुद्दा : आम्मी आम्गेले गुळ्येनिची खेळ्यां!

चंद्रहास : आम्मी देवू कोर्नु खेळ्यां.

---

1. चिल्ल्यांतुल्यो = पिशवेंतुल्यो, पोतयेंतुल्यो

(चेल्ले एक पात्रारी पुल्ल[1] दव्वोर्नू पद म्होणी सुत्तुयेत्ताती)

(पद. राग : आडविगे पोगदिरू । ताळ : अष्ट ताळ.)

चंद्रहास : **नारायण स्मरण। कऽरिरे मना।। पल्लवी।।**
नारायण मण। नारायण गूण
पारायण गायन। करिरे मना।।1।।
अंत्य रहीत स।र्वांतू भरितू दै।।
त्यांतकागेली किर्तना।।2।।
शिष्ट रक्षकू बरी। दुष्ट शिक्षकु हरी।।
कृष्णाले चरणांचेरी। कुऽरिरे मन।।3।।

राम : इत्रे! जेवणा वेळू जाल्लो ह्या चेर्क्याक जेवण कोणांतयी आजी?

भोम : मंत्रीतयी सम्राधना आस्सखंयीं, सक्कड थयी वोच्चां,

(सक्कड चेल्ले जाय्त जाय्त म्होणू वत्ताती)

●●●

1. पुल्ल = फूल

दुष्टबुद्धिलें घर

(भट्ट बसल्यातीं)

सुब्बा भट्ट : नारायण. 'परान्न प्राणसंकट' म्होचें निजऽ चो, इत्लें कोर्नु हावें सब्बार कार्यीं खायनी वाळ्ळेलें तित्लेची?

तिप्पा भट्ट : हावं हे खात्तिरी आत्तं खंयियीं जेवणांक वच्चना, आनी जेवणांक गेल्लेले दिसाचें मर्क सांगचें न्हयीं तें.

सुब्बा : निजऽ जी. तूं आत्त खंयियी सांगनात्तिलें जेवणांक वच्चना आनी सांगनांत्तिले दिवसू मर्कसंकट म्होण्चेयीं खरेंची.

तिप्पा भट्ट : कश्शियी जाव्वो, हो जेवणा श्रम हातभऽरी दक्षिणा मेळ्यारी उपशमन जाय्त.

(दुष्टबुद्धी येत्ता)

तिप्पा भट्ट : (चंद्रहासाक) अरे चेक्र्या, भोजन दक्षिणा घे!
सुब्बाभट्टा! हो चेल्लो कोणू? हो सर्व राजलक्षणानियुक्त जावनास्स.

सुब्बा भट्ट : व्हयी तो कोणुकी? मंत्रील्यागगी निमगी!

तिप्पा भट्ट : मंत्रीश्रेष्टा! हो चेल्लो कोणू?

दुष्टबुद्धी : इत्याक? अस्सले अनाथ जावनू बिदीन बिदी[1] चेर्के आम्गेले गावातूं कित्लेक आस्सती. हो कोणू? कोणा पुतू? मेळ्ळेलें राजकार्यांतू मग्न जावनाशिल्ल्या माक्का कश्शीं कोळचें?

तिप्पा भट्ट : तश्शी जाल्यारी सांग्चें एक उत्तर आयक. तुग्गेले बरेपणांचें?

(पद. राग : प्राणकांता निन्न काणदे । ताळ : ऐकताळ)

सचीवेंद्रा तुवें सोणयीं ।। पल्लवीं ।।
वचन हें घट्टी म्होणयीं ।।
हो चेल्लो नीचू म्हळ्यारी कोणायी ।। अ. प. ।।

D KONK · II CENTRE

1. बिदीन बिदी = रस्त्या रस्त्यार

पुरा लक्षणी हो भरितू।।
दूर इत्याक तूं पळे हातू।।
भारी उदारी मू। खारी हो जात्ता। सची ।।1।।
सक्कडा राज्याक होची धनी।।
चुक्कना नात्तिलें जात्ता आनी
हाक्का सोणाक्का तूं। रक्षण कऽरी। सची।।2।।
उत्तमांक जावनू राज्य वश ।।
उत्तरोत्तर वृद्धी जाव्वो यश।।
उत्तर । सत्य हें। कर्तलो कृष्णु। सची।।3।।

(भट्ट वत्ताती)

दुष्टबुद्धी : आमगेल्या रायाक पुत्र संतती ना जाल्ले निम्मितीं हें राज्य रायालो प्रधानू जावनाशिल्या मेग्गेले पुत्ताक मेळतलें म्होणू लेक्किलें हावें. आत्तं...

(पद : राग : छलव्याको प्रिया। ताळ : आदिताळ)

इत्तें करिन्हावं । पुतालें दुर्दैव।।
नुत्त बस्ल्यारात्तं। वत्ता राज्य सर्व।। पल्लवी।।
भट्टांले वुत्तर। गुट्टारी समग्र
फट्टी कर्नातल्यारी। पेट्टु हो पोट्टारी।।1।।
चारांक सांगुनू। पोराक धोरोनू।।
घोरारण्या होर्नू मारैतां कायदिवनू।।2।।

ह्या कामांक सब्बार वेळू केल्यारी जाय्यिना. कोण थंर्यी?

सेवकु : इत्ते आज्ञा?

दुष्टबुद्धी : मारेकारांक आप्पयी!

सेवकू : आज्ञा!

(पडदो पड्ता. प्रथमाध्याय संपूर्ण जाल्यो.)

द्वितीयाध्याय

अरण्य

(मारेकार चंद्रहासाक घेवनू येत्ताती)

चंद्रहास : (पद. राग : भूपीखरेते । ताळ : एकताळ.)

निप्पोनू हळूची आप्पोनू हाणू हांगा ।।
काहीं तप्पू[1] नात्तिलें। कोप्पू[2] येतवे सांगा ।।
(चाल) करुण सोणश्शी[3] बरी दुर्तु जावनयी।
निरपरायाचेरी हातू कोर्नयीं।
अ–नाथू मेज्जेरी। प्रिती पुर्ण दवोर्का ।।
अ–निती सोणू प्र।ख्यातिवंत म्होणोका ।।1।।

मारेकार : नीनू अत्तु एनू प्रयोजनविल्ल. नम्म धणी आज्ञेयू
निन्ननू कोल्लुवुदू. सिद्धनागू
(अनु : तुवें रडून कांयच उपेग ना. आमच्या धनयान तुक्का मारयाची
आज्ञा दिल्या. तय्यार राव तूं!)

चंद्रहास : ह्या मारेकारालें क्रूर हृदय मेग्गेलें उन्नानी
दयार्द्र जायना. आनी देवालाग्गिची दूर[5] दिवचें.

(पद राग : स्मरताता । ताळ : ऐकताळ)

मुरवैरी। करुण कऽरी ।। शरणाचेरी।
परमशौरी गिरीधर हरी ।। पल्लवी ।।
बरी दुष्ट कृपा सोणू।। हरण कर्ताती प्राणू।।
हरी आयक। हरी राक। शरणाक।
त्वरितारेनू हरुष दिवनू।।1।।

---

1. तप्पू = चूक 2. कोप्पू = राग
3. सोणश्शी = सुटी नाश्शी

निरपराधिरे हावं। उरगशयना पाव।।
सुरप्रिया। गिरिराया। करी दया। गरूड गमन।।
दुरीत शमन।।2।।

मारेकारू : अण्णा, नोड्डू नोड्डू पाप!
(अनु. आण्णा, पळय पळय पाप!)

(पद : राग :वाडवो मुट्ट बेडवो। ताळ : अष्ट ताळ)
नाडेला। अंणा।। नाडेला। पल्लवी।
काडनोडूत भीतियोळु बलू। बाडी बेंडागीतनू।।
बेडूवनू कै। जोडिसुत्ती। पाडनीक्षिसलारेनू।।1।।
चिक्क बालन। कुक्किकोंदडे। दक्कदू गूण सिक्कदू।।
उक्कुतीह नर। कक्के बीळवु। दक्के मन्मनवोल्लदू।।2।।

दुस्रो मारेकार : (पद. राग : त्या वदन मनोरम रूपे । ताळ : आदिताळ)

छी तम्मने होडी येन नोड्ती।
नी सुम्मने येनेन आड्ती। पल्लवी।
(चाल) ई किर्ती। लोकदोळ पुर्ती। यिर्प स्थीर मुर्ती।
ईकेयने दूडीत। बेकागी मनेय हाळ माड्ती।।1 ।।
(अनु : छी भावा, मार्नु सोडी कस्सल पळैता, तूं जावका म्होणू कस कसले उलैता. हे लोकांत स्थिरमुर्ती म्हळेरी किर्ती, हिक्का नाकका म्होणू तूं घर वायट कोर्नू अस्स.)
शुर्वे मारेकार : **नंगे ई किर्ती बेड. नीने कोंदू बिड्डू. नंगे ऊटक्विल्लदिद्रे मूटे होत्तू जीवना माड्डेनू**
(अनु. : माक्काते किर्ती नाक्का. तु चि मार्नु सोडी. माक्का जेवणा नात्लारी होडना पोटली होवनू हांव जीवन करीत.)
दुस्त्रो मारेकार : **नीनू नन्न गुट्टू तिळिदुबिट्टे. हेंगाद्रु ई पोरगे इल्ले बिट्टु बिडोणा. आद्रे ई केट्ट बुद्धिगे गुर्तु ऐनु तोर्सोदु?**

(अनु. : तू म्हगेले रहस्य जाण जालो. कश्शी जावो हे पोराक हांगाची सोणू सोड्या. जाल्यारी ते दुष्टबुद्धीक वळकेक कस्सल दाकोचे?

शुर्वे मारेकार : **हुडूगन कालागे वंदू बेळ्ळु हेच्चिगिदे**
अदन्नू कोयदू आ केट्ट बुद्धिगे तोर्सी बिडोण
(अनु. : चेल्या पाय्यांतू एक बोट चड अस्सा. ते कातोर्नु ते दुष्टबुद्धीक दाकोन सोड्ड्या.

दुस्रो मारेकार : **हांगेये माडोण.**
(अनु. : तश्शी करया)
(बोट कात्तोर्नु सोण्ह वत्ताती.)

चंद्रहास : अय्यो देवा!

(पद. राग : कैळौ। करुणा कलिते। ताळ : ऐकताळ)

भारी क्रूर। मारेकार। कारुण्यहीन
दूर हाणू। गेल्ले सोणू। धुर्त दुर्जन।। पल्लवी।।
अय्यो एकी। पाय्या दुकी। जाय्यिना सहन।।
भंयदिस्ता। येय्या कोणयीं। दिय्या जीवदान।।1।।

हे देवा! जिवारायिलें हें संकष्ट तुवें एक्क बोट्टारी परिहार केल्लें.
(पद)

योरे तूं व।द्रारी पाव। वारणोद्धारी।
आरु भारु। तुज्जेरी उ।दारी। कंसारी।।2।।

बहु भयंकर स्थळ हें, चिक्के दूर वोचुनू कोणयीं मेळ्ताातिवे म्होणू पळैतां!
(बेड यत्ताति)

बेड : (पद. राग : सव्वार मेरे।। ताल : एकताळ)
यय्याती मृगबेटे सर्व बेड। पल्लवी।

व्हडी कठारी। हाडी कुडारी। काडी नाराची। दोरी।
ती व्हडी करडीं मारी। त्या पाड वागाक धऽ री।।1।।
डुक्कर येवनू। माक्का पोळोवनू।।
चुक्कोनुधांवता चोयी। ओहो। सक्कड आयली
व्हयी। वग्गी मेक्कळी बलें तयीं।।2।।

दुस्रो बेड : हांगा धणी येय्ता म्होणू दिस्तारे.

तिस्रो बेड : येय्लेरे धणी येय्ले. बोब मार्नुक्का हांव मुकारी वैता. (वत्ताती)
(चंदनावती राय आनी सारथी येत्ताती)

राय : सारथी! ह्या दुष्ट मृगान आम्कां बहू दूर धांवडानू
हाळ्ळे. आत्तं खयिं गेल्लें मोणू दिस्सना.

सारथी : तें मृग धांवनू धांवनू सोल्वुनू[1] त्या जाडा म्ये निप्लां.

रायू : बद्धऽची. चोयी दिस्ता.
(पद. राग : बलु मातानाडदिरू मूढा । ताळ : ऐकताळ)

भारी व्यर्थ इत्याक धांवता।। पल्लवी।।
गुरी धर्तां वांच२ पळैतां ।।अ. प.।।
ठक्क चल्ना पळे। चिक्के सोडी दोळे।।
चुक्कोनू घे बाण सोळ्ळेले।।बरी।।1।।

चंद्रहास : अय्यो देवा! मेज्जेरी अश्शिम कोप्ला इत्याक?

राय : कोणालोकी येकू स्वरु अयक येत्ता.

चंद्रहास : (पद राग : ना येना माडली श्री हरिये। ताळ : अष्टताळ)

ज्ञानहीन्हावं दिनू बहू सानू।।
दीन बांधावू दुस्रो। तूं नंता कोणू।। पल्लवी।।

राय : हांगा लाग्गी कोणकी दुःख कर्ता। पाप कोण हें?
(पद)

1. सोल्वुनू = पुरो जावनू

चंद्रहास : **धेनुकासुर । धन दानवमर्धन ।।**

ज्ञाननिधी कृपा । दान दी कृष्णा ।। अ. प. ।।

राय : (लाग्गी ओच्चुनू चंद्रहासाक पोळोनू) इत्ते आश्चर्य ! ह्या अखंड अडवेंतू एकू बहू सानू चर्को आण्याल्या आवसू बाप्सूंक आप्पैनात्तिलें देवांक आप्पोनू रडूता. आश्चर्य! हे बाळा!

(पद. राग : केळै सचिवेंद्रने । ताळ : अष्टताळ)

यो तूं । भिवनाका अश्शी ।। पल्लवी ।।

दुष्टानी कोर्णे तुक्का । कष्ट दिल्लेले सांका ।।

सृष्टीरी सोणा तांका ।। श्रेष्टा तूं भिवनाक्का ।।1।।

अरे बाळ तूं कोणू ।। बरीसानू गुणपुर्णु ।।

हरुषान सांगात्तं । परिपूर्ण वृत्तांत ।।2।।

चंद्रहास : हांव हांगा लाग्चेची एक्क गावांतू भिक्षेन जीवन कोर्नू आश्शिलो एकू अनाथू.

रायू : हांगा तुक्का कोणें हाळ्ळोलो?

चंद्रहास : मेग्गेल्या दुरादृष्टान

राय : (आणित्ल्याक) हाग्गेल्या दुःख्खाची खब्बर निम्गुन्नू आन्निकयीं हाक्का बाधा दिवची नाक्का. माक्का संतती नात्तिल्याल देवाऽची हाक्क दाक्कोनू दिल्लोलो.

(चंद्रहासा लाग्गी) बाळा! मेज्जे सांगाती यो. तुक्का हावं बरे प्रमाणी पालन करीन.

चंद्रहास : जाय्त.

राय : सारथी! तूं मुकारी वोच्चुनू सर्व पट्टण शृंगारू करै. (चंद्रहासाक) यो वोच्चा. (वत्ताती)

●●●

रायालें अंतःपूर

दासी : रायान सांगुनू पेटेयिल्या प्रमाणी सर्व पट्टण शृंगारु केल्लां.

राणी : इत्याखयीं ?

दासी : रायाक मृगबेटेक गेल्लेलेकडे एक चेर्डुं रान्नांतू मेळ्ळा खंयीं.

राणी : चेर्डाक रान्नातू सोड्चेतित्ले पापिष्ट ह्या भुयंचेरी कोणायीं आस्तित म्होणे हावं लेक्कना आनी आम्चेसल्या अद्रष्ट हीनांक चेर्डुं मेलचे म्हळलेलेयिं फट्टिची.

दारी : हें फट्टी जाल्यारी तुम्मी सांगिल्ले शिक्षेक हांव तयार आस्सं.
(राय चंद्रहासाक घेवनू येत्ता)

राणी : (उटानू राब्बुनू) हें चेर्डु खंचें?

राय : हावें मृगबेटेक गेल्लेले कडे एक अखंड अडवितू हो चेल्लो रोणू बश्शिलो. हाक्का आवसू बाप्पुसू देवुची म्होणू हो मण्ता. आम्कां चेर्डुं नात्तिल्ल्याक देवानऽ ची हाक्का दाक्कोनू दिल्लो म्होणू हांवें आप्पोनू हाळ्ळो.

राणी : चांग जाल्लें.

(पद : राग : बा बा बा मुद्दु कंदने । ताळ : ऐकताळ)

यो यो यो लाग्गी। भिवनाका वग्गी। पल्लवी ।।
योरे मेग्गेल्या देवा। योरे मेग्गेल्या जीवा ।।
दीरे वग्गेकुम्मा। बांधवा ।।1।।
दुष्टानी कोणे तुक्का। कष्ट दिल्लेले सांका ।।
सृष्टीरी सोणा तांका। भीवनाक्का ।।2।।

दासी : पुरोहीत आय्ले. (सक्कड उटानू राब्ताती)

राय : आचार्यांक नमस्कारू.

पुरोहित : दीर्घायुष्यमस्तु!

राणी : भूदेवांक साष्टांग वंदना.

पुरोहीत : सौभाग्यमस्तु!

दासी : आचार्यांक वंदना.

पुरोहीत : मंगलमस्तु!

राय : आम्कां चेर्डुं मेळ्ळेली खब्बर आय्कुनू तुम्कां आनंद जानू आश्चा पुरो म्होणू हावं लेक्ता.

पुरोहीत : आम्का म्होणू इत्तें सगळे राज्याक अत्यानंद जाल्लो.

रायू : चर्क्याक नामकरण कोर्कान्हैवें?

पुरोहीत : व्हयी. त्या खातिरिची हावं आय्लां (पंचांग काणू) हें चेर्क्यालें हास्य मुख चंद्राक धिक्कारु कर्ता जाल्लेनिमित्तिं, हाक्क 'चंद्रहासू' म्होणुंची नांव घाल्का!

राय : तस्सिची जाव्वो, हाक्का विद्याभ्यासू दिव्कान्हे वैं?

पुरोहित : अगत्य. विद्याविहीनपशू अश्शी विद्ये विषयांतू विद्वांसलो अभिप्रायू आस्स. जाल्ले निमित्ती, विद्याभ्यासाक फाल्याकऽची प्रारंभू कोरैत.

राय : जाय्त.

(पडदो पडता)

●●●

राजदर्बार

राय : इत्तें मुहुर्त आय्ला की?
पुरोहित : व्हयी. आनी तोडोवू कोर्चो नाक्का.
राय : चंद्रहासा!
(पद राग : केळै सचिवेंद्रने पेळुव नुडि । ताळ : आदिताळ)

बैस सिंहासनारी। संतोषारी।।प।।
पुरा राज्याकानी।धीरू तुंची धनी।।
कऽरी पाल स्वध।। र्मारी संतोषारी।।1।।
शांत हृदयगुण। वंतू म्होणोनू घन।।
स्वंत किर्तीक दि। दंत विश्रांती दी।।2।।

(चंद्रहास सिंहासानारी बस्ता)

राय : चंद्रहासा! राजनिती तुक्का सांगुका म्होणू माक्का अगत्य दिस्सन. रायालो अभ्युदय पुर्ण प्रजापालनेरी आधर्सुनू आस्स. प्रजेचो केदानायी प्रिती दव्वरी.

(दिंडी) प्रिती शृंखला पाशू दृढ केदनायीं।
भिती शृंखलेचो पाशू स्थीर न्हयीं।।
भ्रमरु रूकू कोर्विता जाल्ल्यारियी।
कमलांतू सांपोणू पड्ता चोयी।। 1 ।।

हें चांची उडासू देवोर्नू घे. आनी प्रजेल्यागीं करबारु वसूल कर्त चांची आलोन कऽरी.

(साकी)

फुल्लांक दुक्कैनात्तिले बहू उल्लासारी भ्रमर।।
मेळ्ळलो म्होवू पित्ताती पळे। तशिचची करभार
दिल्लेलें काणघेनू। उल्लोका परिस्थिती चोवनू

आनी आम्मी वर्साक एकपंता कुंतळ राजधानीक कप्पुकाणिके पावित कोर्ची अस्स. ती तूवें वेळारी पेटोनू दिवका.

चंद्रहास : जाय्त, माक्का सांगिल्ली राजनीती उड्रासू दवोर्नु घेवनू कप्पकाणिक आजिची पेटय्तां. कोण थर्यी!

सेवक : इत्याज्ञा?

चंद्रहास : कुंतळ पट्रणांक वोच्चाक दोग्गजाणं रायभारी यव्वोती!

रायभारी : (दोग्गयिं नमस्कारु कर्ताती)

चंद्रहास : (पद राग : केळु प्रभावती । ताळ : अष्टताळ)

वोच्चुनेय्याती। सच्चरितानो तुम्मी ।।प ।।
पुळ्ळे प्रमाणी योग्य। जाल्लेली ही काणिक ।।
उल्लासान चंद्रसान। दिल्ली म्होणू सांगा तुम्मी ।।1।।
कुंतळ रायाथंर्यीं। मंत्री प्रवीणांकयी ।।
संतोषान दिय्या धर्या। हांतू जागृती कर्या ।।2 ।।
चंदानावतीकात्तं। चंद्रासू रायुजावनू ।।
वंदना सांग्ल्या म्होणू। चंदायेन सांगा तुम्मी ।।3 ।।

रायभारी : आज्ञा.
(द्वितीयाध्याय संपूर्ण जाल्लो)

●●●

... D KONK... CENTRE
विश्व कोंकणी पुस्तकालय

तृतीयाध्याय

दुष्टबुद्धिलें घर

सेवक : चंदनावती थाक्कुनू कप्पकाणिक आय्ला.

दुष्टबुद्धी : अप्पयी तांका हांगा.

रायभारी : मंत्री श्रेष्टांक नमस्कारू.

दुष्टबुद्धी : कुळिंदु क्षेमारी आस्सकी?

रायभारी : व्हयी सक्कड क्षेमारी अस्सती.

दुष्टबुद्धी : अस्सो. देवाले दयेन तो कळिंदू सब्बार वर्स राज्य परिपालना कोरो. सोण दिल्लां.

रायभारी : ना स्वामी. राज्य तान्नी पुत्ताक बांदला!

दुष्टबुद्दी : इत्तें! कुळिंदान पुत्ताक पाट्टू बांदला!

(पद. राग : बाया मुच्चिकोळ्ळलो । ताळ : रूपक)

छी! छी! पट्टी सांग्ताती ।। पल्लवी ।।
श्रेष्ठ कुळिंदान चर्डुं दृष्टीन पळैनी तुम्मी ।।अ.प ।।

संततीची जायनी मोणू चिंतेन तो जाल्ला क्षीणू ।।
पंथाकयी तुम्मी सांग्ले। भ्रांतीचे कार्बार म्होण्चें ।।1 ।।
यद्धोळूयी जाय्नानात्तिली। सुद्धी हे सांग्ल्यारी कोणै।
बद्द म्होणुमण्तीतवे। बुद्धी तुम्का सोणुगेल्वे ।।2।।

रायभारी : हें निजऽ ची स्वामी. आम्गेलो राय स्वल्प वर्स फुडे एकू दिवसू मृगबेटेक गेल्लोलो. त्या वेळारी रान्नांतू एकू चेर्को मेळ्ळोलो.

दुष्टबुद्धी : जाव्वो. रान्नांतू दुष्टमृगादिकांनी आनी दुकै नात्तिलें सर्व अंगांनी भरीत जावनू आश्शिलोकी तो चेल्लो?

रायभारी : दुष्टमृगादिकांनी चल्याले आंगाक स्पर्श कर्नी जाल्यारी त्या चेल्याले सौंदर्याक एकू कुंदुम्हणसी, तागेले पाय्याक पांच नंता

एक बोट चऽड आश्शिलें.

दुष्टबुद्धी : (मनांतू) तोचिकी हो चेल्लो? (प्रकट) तें आस्ता मागिरी?

रायभारी : कोणेकी तें बोट कात्तोर्नू...

दुष्टबुद्धी : (मनांतू) माक्का हाणू दाक्कयिलें (प्रकट) चर्क्याक थयिंची सोळ्ळोलो न्हयिवें?

रायभारी : व्हयी स्वामी.

दुष्टबुद्धी : रान्नांतू मेळ्ळोलो चेल्लो तो कोणू? आनी राय जावचाक योग्युवे? म्होणु पळैनात्तिलें, ताक्का कुळिंदान पाटू बांदलोकी?

रायभारी : तो चेल्लो पुरा राजलक्षणांनी युक्त जावनू आस्स जाल्ले निमित्तं ताक्का पाटू बांदुका म्होणू जाण्त्यानी सांगिलें.

दुष्टबुद्धी : कळ्ळें. (मनांतूं) हांवें मारोचाक पेटयिलोची चेल्लो हो. हाक्क संशयू नाक्का. (प्रकट) तस्सले राज लक्षणान युक्त जावनाश्शिल्या चर्डाक रान्नांतू होर्नू सोळ्ळोलो खयीं ?

रायभारी : तस्सले देवासमान आश्शिल्ल्या चर्डाचेरी दोनी आटयिल्लो पापिष्ठू कोणुम्होणू यद्दोळू कळ्ळिन.

दुष्टबुद्धी : (मनातूं) तो हावंची म्होणू लेक्कुनू हो माक्का सोव्तकी? (प्रकट) जाव्वो. सेवका, हांकां भोजनशालेक आप्पोनू व्हर.

रायभारी : आजी हरी दिवसू, कायचीं आहारु घेनांती आम्मी.

दुष्टबुद्धी : हें केद्ना धोर्नू?

रायभारी : आम्गेले नवे धनीयांगेली आज्ञान जाय्ता धोर्नू.

दुष्टबुद्धी : जी आज्ञा इत्ते म्होणू?

रायभारी : (पद राग : अरसिक कितिहा सेला । ताळ : अष्टताळ)

दशमिरी एक जेवण।
ऐकादशिरी उपोषण रात्री जागरण।।1।।
द्वादशी दिवसू सुखान।।
अरुणोदयू जात्तची जेव्वें प्रधान।।2।।
आज्ञा ही चंद्रहासाली।
अति सुज्ञा सत्याची प्रतिज्ञा आम्गेली ।।3।।

दुष्टबुद्धी : कळ्ळें फाल्ल्या जेवण कोर्नू वोच्चयेत.

(वत्ताती) मारेकारानी दगा दिल्ली. निज जावनू तोची चेल्ल हो.

(पद राग : नंबलागदू स्त्रयरा । ताळ : अष्टताळ)

पर्तुनू आय्लो चेल्लो। धुर्तानी सोळ्ळो।। पल्लवी।।
पाप कोर्चाक भीवनू। पापी चारानी सोणू।।
आपत्तू गेल्लो धावनू। हे परमात्मा।।1।।
(आलोचन कोर्नू)
प्राणुगेल्यारी वोच्चो। सोणा हो चेल्लो खंचो।।
म्होणहाक्का रायू कोर्चो। हे परमात्मा।।2।।
चुक्कोनू गेल्लेल्याक। पक्कने मार्चाक
वक्कद दित्ता ऐक। दुःखित्याक।।3।।

हावें मार्लेल्या प्रथमले बाणान मेग्गेले वैन्यालें एक बोट काळ्ळें. आनीवर्चे बाणान वैन्यालो गळो इत्याक वोच्चानज्ज? (मदन आनी विषया येत्ताती) मदना!

(पद. रागू : वलिवुते बा बा प्रिय । ताळ : अष्ट ताळ)

चंदनावतीक वत्तां । वग्दारी येत्तां।। पल्लवी।।
श्रेष्ठ कुळिंदाक। भट्टुनू अतिरेक
गुट्टाचे कामेक। घट्टी कोर्नेवचाक।।1।।
सक्कडांतुयी तिक्का । चिक्के जागृती सांका।।
हाक्क विसोर्नाक्का।
(विषयल्यागी) तुक्का कस्सलें हाडा।।2।।

विषया : मक्का काहीं नाक्का. जाल्यारी, मेग्गेले किराक जोडी जावचो एकू किरु हाळ्यारी जाय्त.

दुष्टबुद्धी : कळ्ळें. ताक्का परगावांतू सोद्दुकावे?

विषया : रायकीराक जोडीक ह्या गांवचे सामान्य कीर जात्तित्वे?

दुष्टबुद्धी : जाय्त. हाड्तां. हावें यवचाक तोडोवू जाल्यारी फुडेची दिवनू पेटय्तां. मदना, हावें येवू तायीं तुवें रायालाग्गिची आस्सुनू ताग्गेली प्रिती आस्स कोर्नू घे. विस्सोर्नाका.

मदन : जाय्त.

(पडदो पडता)

कुळिंदालें घर

सेवक : दुष्टबुद्धींगेली सवारी आयल्या.

कुळिंद : (उटानू राबूनू) : हांगा दया कोर्का.

दुष्टबुद्धी : तुग्गेले स्थानारी तूं बैस. हावं हांगा बस्तां तुग्गेले राज्यांतू सुभिक्ष न्हैवें?

कुळिंद् : देवालें दयेन आनी, तुमगेले करुणान सर्व सुभिक्षऽची.

दुष्टबुद्धी : तुक्का चर्डुं मेळ्ळेली खब्बर आयकुनू माक्का अत्यानंदू जाल्लो. खयिं आस्स तो?

कुळिंदू : चंद्रहासा! (चंद्रहास येत्ता) होची तो चेल्लो.

दुष्टबुद्धी : चंद्रहासा! तुग्गेले बाप्सुलीं उत्रां आयकुनू आनी तुक्का पोळोनू मक्का संतोषू जाल्लो. तुग्लेले बाल्यावस्थेचें चरीत्र आयकुचाक हावं आतूर पावतां.

चंद्रहास : ती दुःखाची खब्बर इत्तें सांग्चि? ह्या चंद्रहासान जाल्ले तक्षणांची आवसू बापुस्सू सोणे गेल्लिंती दुसरी एकी रक्षकी म्हांतारी, तिक्कायी तिची गती आय्ली.

दुष्टबुद्धी : 'दुक्की बोट आङ्डोळचे चड' माग्गिरी.

चंद्रहास : माग्गिरी हावं भिक्षेन जीवन कोर्नू आशिल्लों. तन्मधें मारेकारानीं माक्का रान्नांतू होर्नू मार्ची प्रयत्न केल्ली जाल्यारी अनाथांक नाथू जावनाशिल्या देवान जिवारी आय्येलें तें संकष्ट एक्क बोट्टारी परीहार केल्ले. ताज्जे माग्गिवेली कथा तुम्कां गोत्तू आस्सूं. पुरो.

दुष्टबुद्धी : गोत्तास्स. तुग्गेलें हें चरीत्र आय्कुनू मेग्गेलें हृदय छेदन जाता. तें तस्सी आस्सो. तुवें मेग्गेलें अती अगत्याचे एक काम कोर्का.

(पद राग : योगो योगो सुंदरी । ताळ : रूपक)

योरे योरे हांगा। योरे शुभांग।।प।।
योरे शशिहासा तूं। व्हर कागदेक।।
भारी अगत्याचें म्होणू। दिरे मदनांक।।1।।

बिट्टी म्होणू लेक्कुनू। गुट्टू विसशी।।
वाट्टेरी वडानू। ओट्टू व्यर्थ कशी।।2।।
(कागद दित्ता)

चंद्रहासू : (पद. रागू बिडुछलवनेले तरुणी । ताळ : त्रिवुडे)

मनदिवनू कर्ताहावं ।।प।।
धनी तुम्गोले। घनकार्य हें ।।अ.प.।।
हाक्का संशय। नाक्का दुसर्यांक।।
दाक्कैनात्तिले वोच्चुनू ताक्का दिच्वाक ।
चुक्कना आनी लेक्कना ही बिट्टी[1] म्होणू।।१।।

फाल्या सकाळिंची वत्तां.

दुष्टबुद्धी : जाय्त.

(पडदो पडता)

1. बिट्टी = आपखोशयेन केल्लें काम.

कुंतळ उपवन

(चंद्रहास येत्ता)

चंद्रहास : कुंतळ पट्टण हांगा लागिचीं दिस्ता. एकी घडी हे वनांचें सौंदर्य पोळोनू मुखारी वोच्चें. आहा! आयासू[1] पाविल्याक विश्रांति घेन्चाक बहू चांग स्थळ हे.

(पद. राग : ऐनु रूपवो । ताळ : रूपक)

श्रेष्ठ हें वन। सृष्ठिरी घन। दृष्ठी सुख धन।।प।।
ह्याक्षिती देवीन।। वृक्षांक प्रितीन।। शीक्षा दीनात्तिल्लें।।
रक्षण केल्लेले। वृक्षानी चोवंनू प्रात्यक्ष सर्व्ये फल।।
लक्ष। भक्ष। दक्षिणा दित्ताती ।।1।।

ह्या जलप्रवाहा लाग्गी एकी घडी विश्रांकती घेत्तां.
(चंद्रहासाक नीद पड्ता. विषया, चंपका, सख्यो यत्ताती)

विषया : (पद राग : चल चलहे प्यारी । ताळ : रूपक)
चोय्याती येवनू लाग्गी ।
दिय्याती पुल्लं काणू मेज्ल्यागी ।।प।।

चंपका : **कस्तुरी मोग्या कळे। मस्त जाल्याती पळे**
दिस्ता कश्शी पिशैताती दोळे ।।1।।

विषया : **होड होड गुलाबी शेंवततीं। झाडारी**
पुल्लेल्यांती।। काड्ड्याती काल्ची सब्बार्नांती।।2।।

चंपका : **विषयेगेलो हासू जावनू मोगारी**
लाज पावनू।। वेगान तग्गू[2] पड्ताती बावनू ।।3।।

विषया : **पुरो पुरो उल्लोनू अश्शी। कीरकोगिले भाती।।**
पुरा धांव्ताती चोयी चोय्तश्शी।।4।।

---

1. आयासू = थकिल्ल्या 2. तग्गू = सकयल

सखी : कीर आनी इत्याक धांवताती?

विषया : चंपकालो स्वरु आय्कुनू लज्जी पावनू.

चंपका : पुर्गो परीहास. फुल्लं काड्याती वोच्चां.
(विषयानंता सक्कड वत्ताती)

विषया : (चंद्रहासाक चोवनू)
(पद राग : भाविसे वळ्यारू । ताळ : आदिताळ)

कोणू हो महारायू।। पुर्ण सुखाश्रयू।। पल्लवी।।
व्हो हरी म्होणू नज्ज ना हाक्का चतुर्भुज।
मोहनांगाली वज। स्नेह माग्ता नीज।।1।।
इंदू न्है दोळे दोनी। चंदू म्होनूक कायीं।
कुंदू ना हाज्जे छायी। गंधर्वु हो न्हयी।।2।।
हाग्गेली ही चंदायी। लाग्गिचो वाल्ल्यो तायीं।।
बागवुनू चोवनू थयी। योग्यू म्होणू धोल्ताती।।

हाक्का चोवचें म्हळ्ळलेंची दोळ्यांक एकी परब. पुर्ण दृष्टीन चोयन म्हळ्यारी ब्रह्मान न लज्जेचें एक होड वजें मेज्जेरी व्हावय्लां (लाग्गी वोच्चुनू पोळोनू) हाग्गेल्या चिल्लांतू एक कागद दिस्ता. तें काणू पोळोयेत आस्सिलें जाल्ल्यारी, जागो जायतकी? शब्दू[1] जाय्ना अश्शी हगूर[2] वोच्चुनू काड्ता (कागद काणू चिक्के दूर येत्ता) ओहो! मेग्गेले अन्नान मेगेलो भावू मदनांक बरयिलें कागद- हें हावें वाच्चुयेत.

(पदः राग : लालिसू बालर नुडिदयदी । ताळ : आदिताळ)

श्री सगुणानिधी मदनाक। आशीर्वचनेक।। पल्ल।।
गे सुगुणा निधी। शेषशयनू पर
मेशू तुक्का सं।तोषू दिव्वो म्होणू।। अ.प.।।

1. शब्दू = आवाज 2. हगूरू = ल्हवूच

हो शशिहासू म।हासुखकरू बहू धीरू।शूरू
लेशमात्र कार्यीं। दोष नात्तिलो प्रचुरु।
श्रीश दयेन स्व।देश कोश सी।
हासनाक यज।मानू जात्ता निज ।श्री।।1।।

निजऽ ची हें आनी इत्तें बाइलां पळय्तां.

पद : सक्कडाकयी मुख्य एक कामहेंची।।वाची।
ठक्क न्हयीं पळे। तुक्का सांगनेत्तची।।
हाक्का प्रथम विष–एक मात्र पळे।
फक्कने दितू। शक्कुनाक्का तुक्का। श्री।।2।।

हे इत्तें? हो आम्गेले राज्याक रायू जात्ता म्होणू प्रथम बरय्लां, माग्गिरी हाक्का कायी शक्कुनात्तिलें – विषय एक मात्र दी म्होणू आनू बरयता. सर्व गुणान युक्त जावनू आशिशल्याक विष दी म्होणू कोणयी बरैशिना. बरैताना निजजावनू आनू चुक्कुनू पळ्ळां. हो बोरोचाक गेल्लोलो 'विषयेक' म्हळ्यारी, माक्का हाक्का दी म्होणू. चुक्कुनू अश्शी बरैलें. जाव्वो माग्गिरी इत्तें बरैला वाज्जिता.

श्रेष्ट कार्य हें। भ्रष्ट कोर्नू घेवनाक्का। तुक्का।।
श्रेष्टू म्होणोचाक कष्ट जाय्त पळे माक्का।
सृष्टीरी तूं अती। श्रेष्टू मणय्यिती।
स्पष्टवादू हो। दुष्टबुद्धीलो।।2।।

हें नीज ची श्रेष्ट कार्य. हें कागद मदनांक पावचे पशी फुडें हावें पळयिलें न्हयी जाल्यारी – कार्य अनर्थाचेंची जात्ताश्शिलें.
आत्तं नाक्टांनी दोळ्या काज्जळ काणू समकर्ता.
(समकोर्नू वाज्जिता)

सक्कडाकयी। मुख्य एक काम हेंची। वाची।।
ठक्कन्हयीं पळे। तुक्का सांगनेत्तची।।

हाक्का प्रथम विषयेक मात्र पळे।
पक्कने दी तूं। शकू नाक्का तुक्का।।

दुसऱ्यां जिवू काडचें नांव माक्का दवर्ल्यारियी सानधोर्नू विद्या शिक्कशी केल्लेले मात्रना तो आवगुणू निप्लो. माक्का धनान अथवा मर्यादेन, खंचातुयी उणें नात्तिलेक विद्या इत्याक म्होणू नुतची बसयिली जाल्लारी, आजी केद्दो अनर्थु घडूतो! दुड्डु आशिशिले मात्रान मेज्यान हें कागद वाच्चूंक जाय्ना आशिशिलें. जाल्ले निमित्तिं विद्याछी श्रेष्ट म्होण्का.

(साकि)

सत्याकयि धन दीत्तऽ जाल्यारी। जात्ता उणे कांयवर्ना।।
उत्तम हें विद्याधन मात्र। नित्ययी दिल्ल्यारी सर्ना।।
जात्ता अभिवृद्धि। दित्ता बहुसुख बरी बुद्धि।।1।।

आनी हें कागद आशिशिले कडेची दवर्ता.
(कागद चंद्रहासाल्या चिल्लांतू घाल्ता आनी घर्कडे वत्ता.
(दिंडी)

देह मात्र मुखारी चोवनू धांवता।।
मोहू पावनू मनभारी माक्षी ताण्ता।।
निजचावनू वान्याक येदी धांवचे।।
ध्वजवस्त्रा समान जाल्ली म्होण्चें।।

(विषया वत्ता)

चंद्रहास : हांगा सुमारू वेळे व्यर्थ केल्लो हावें आनीक मंत्रीथयी वत्तां.

(तृतीयाध्याय संपूर्ण जाल्लो.)

WORLD KONKANI CENTRE
विश्व कोंकणी केंद्र ग्रंथालय

चतुर्थाध्याय
कुंतळ उपवन

दुष्टबुद्धी : (पद राग : पत्रव तंदव। ताळ : एकताळ)

चेल्ल्याक विष ताणे। दिल्लंकी ना म्होणू । कळ्ळेना येद्दोळू।
घाल्ल्यादीन म्होणू। उल्लोनू मदनू गेल्लोकिविस्सोर्नू।।1।।
यद्दोळू मेग्गेली। पद्धती सोणी। मद्दडू जाल्ल्यारियी।।
बद्धवैन्याक। उद्धार करशिना। बुद्धिविहीनुयी।।2।।
कोणिकी येत्ता !
(भट्टं येत्ताती)

1. लो भट्ट : (पद राग : योरे योरे चेल्ल्या आम्मि। ताळ : आदीताळ)
आशेन खेल्लेलें वि।शेष जाल्लें आजी।।
मोसारी पळ्ळों ऊर्ध्व। श्वास गाल्ताती गौजी।।1।।

दुष्टबुद्धी : भट्ट येत्ताती, गांव्चे वर्तमान निंम्गितां
2. रो भट्ट : (पद. राग : (वैलो) । ताळ : आदिताळ)
पोट व्हांव्चाक जाय्ना। मोट कश्शी धोची।।
वाट चम्कुंक पाय। नीट राब्बनांची।।2।।
3. रो भट्ट : **वेद शास्त्रांतू हांव। वादुगीदु नेण।।**
मोदक उंडे मांड्या। स्वादू सांगू जाण।।3।।
दुष्टबुद्धी : प्रथम ती खब्बर निम्गूची नाक्का. आश्शीं निम्गितां, देवानो! यं
खंची आजी भोजन?
1 लो भट्ट : खंयी म्होणू इत्तें मदनांथयी!
दुष्टबुद्धी : मदनांथयी जेवण! आजी इत्तें विशेष थंयी?
2 रो भट्ट : थयी विषयेक... (जांबयी काड्ता)
1 लो भट्ट : व्हार्डीक!
दुष्टबुद्धी : व्हार्डीक! विषयेक कोणांक दिल्ली?
2 रो भट्ट : पुडेची पोट जड जाल्लां. तांतूयी
येक्लो दाट उलैतलो मेळ्ळा, शाभास!

3 रो भट्ट : विषयेक चंद्रहासाक दिल्ली.

(भट्ट वत्ताती)

दुष्टबुद्धी : कागदाचो अर्थू मदनाक कळ्ळोना की इत्कि? बरी मद्दू तो. वोच्चुनू पळैतां.

(वत्ता.)

दुष्टबुद्धीलें घर

दुष्टबुद्धी : इत्तें! मदना! विषयेक लग्न केल्ले की?

मदन : बाप्सुली आज्ञा पुत्तान चोलोचे धर्म न्हैवें?

दुष्टबुद्धी : (पद राग : रंगा निन्न कोंडाडुवेना। ताळः अष्टताळ.)

पुतू न्है तू। दुतू वैन्यालो। बुध्वंतू।।प।।
मुख्य सिंहासनारी। तुक्का बैसोका म्होणू।।
लेक्कुनू सोळ्ळोलो बाणू। मुर्खा तुवें घाल्लो, मोणू।।1।।
आश्शिले द्रव्याराशी। पुस्सुनू वैन्यांकश्शी।।
हास्यशी केल्ले न्हवे। हुश्यारुश्यार म्होणोंतुवें।।2।।

मदन : कोप्ता इत्याक? तुवें बरयिले तश्शी केल्लां हावें!

दुष्टबुद्धी : केल्लां? इत्तें म्होणू बरयिलें हांवें?

मदन : विषयेक चंद्रहासाक दी म्होणू.

दुष्टबुद्धी : आनी तूं गंगायात्रेक वच म्होणे! हाडी तें कागद!

मदन : (कागद दिवनू)

(पद राग : सुस्वर सुरुचीरकवन । ताळः रूपक)

तप्पुगारू[1] कोणू पळे वाची वगदारि।।
कोप्पुनू शिक्षेक गुरी कऽरी माग्गिरी।।
पुत्रान पितृवचन व्यर्थ केल्ल्यारी।
शत्रु म्होणु धरित्रिरि पुरा म्हळ्यारी।।1।।

दुष्टबुद्धी : सम. तुग्गेली चुकी न्हयी. हावें भिष्टायिली खब्बर कोणाल्यागियी सांगनात्तिलें चंद्रहासाक हांगा पेटयी. (मदनू वत्ता)

---

1. तप्पुगारू = दोशी

(पद. राग : तट्टने वदगुत । ताळ : नोट)

चेल्ल्यान चुकी। केल्लेली न्हयीं। चल्लेलें सर्व दुर्दैव।।
चल्लियी। दिल्लियी। उल्लोन सार्थक ना काही।।१।।
जाल्लेलें जात्ता। गेल्लेलें वत्ता केल्लेलें काम सोण्हावं।।
फाल्च्याक मेल्ल्यारियी।
चेल्लियी विधवा जाल्ल्यारियी।।२।।
गौरीपुजेक धाणू वैन्याक शौर्य सक्कड दाकैतां।।
धर्येतां। मारैतां। क्रूरांकार्न चिरैतां।।३।।

भुंयक भारु जावनाश्शिल्या दुष्टांक मर्दन कोर्चे कालारी विष्णू सर्वांक आधारभूत जावनाशिल्या भूदेवीक सुद्धा जलसमाधी दित्ता, माग्गिरी मेग्गेले धुव्वे पाड इत्तें?
(चंद्रहास येत्ता)

दुष्टबुद्धी : चंद्रहासा ! तूवें मदनाकारान सर्व काम सांग्य जावशी करैलें. जाल्यारी ऐक काम मात्र तो विस्सर्लो.

चंद्रहास : कस्सलें काम तें?

दुष्टबुद्धी : आम्गेल्या घरकडे एक लग्न जाल्ले तक्षण त्रिसंध्या कालारी काळीक एक अर्चन कोर्चें कट्ट्लें आस्स. हें काम तुवें आजी एक्ल्यानऽची वोच्चुनू कोर्का !

चंद्रहास : जाय्त. तें काम आजिची हावं कर्तां.

(पड्दो पड्ता)

कुंतळ रायालें घर

राय : (कान्नडेंतू पोळोनू तोंड दिस्सनात्तिलें) सब्बार सेवक आश्शिल्ल्याचो फलू हो. कान्नडी पुशियिनी, कोणरे थंयी? ही कान्नडी पुसूनू हाडी!

सेवक : आज्ञा. (कान्नडी पुसूनू हाणू दित्ता)

राय : पुशिनात्तिलेंची हाळ्ळिवे?

सेवक : ना चांऽ गी पुसूनू हाळ्ळाय.

राय : तुक्का हांतू तोंड दिस्तवे? पळे!

सेवक : (कान्नडेंतू पोळोनू) शुभ्रजावनू दिस्ता.

राय : माक्का देक्केना.

(पद. राग : नंबलागदु स्त्रीयरा । ताळ : अष्टताळ)

आश्चर्य एक हेवैं। निश्चयाकयी।।प।।
हांतुयी देक्केना। भांतिकी म्होणू कळ्ना।।
अंतर्य धैर्य पावना। खंती चुक्कना।।1।।
सृष्ठीरी अतिरेक। कष्टांतू बुड्डिल्याक।।
वेष्टन जाल्लन्नेक। कृष्णा तूं राक।।2।।

सेवक : गालव आय्ल्याती.

राय : चांग वेळारी आय्ल. आप्पोनू हाडी.
(गालवू येत्ता. नमस्कार कर्ता)

गालव : दीर्घायुष्यमस्तू!

राय : मेग्गेलें तोंड कान्नडेंतू दिस्सना, इत्ते तें?

गालव : हें केद्ना धोर्नू?

राय : आत्तऽ ची. दृष्टी अवगुणानवे तें?

गालव : कसलेयीं जाव्वो. जान्चे आश्शिलें कोणांचानयीं चुक्कोचाक जायना.

राय : कस्सलें? मक्का पुर्ण सांगा.

गालव : तुग्गेलो अंत्यकाल लाग्गी आय्लो - जाल्ले निमित्तिं तुक्का

कान्नडेंतू तोंड दिस्सना.

राय : जनना आयिल्याक मरण आस्सतिची. जाल्यारी मेग्गेले धुव्वेक लग्न मात्र केल्लेना हावें, हें एक दुःख मात्र सहन जायना.

गालव : ते खात्तिरी दुःख पावचेनाक्का. दुष्टबुद्धी जावयी चंद्रहासू सर्वगुणान, विद्येन, बुद्धीन युक्त जावनस्स, तुग्गेले धुव्वेक योग्य बाम्मुणू तो. ताक्का अत्तं धाप्पोनू हाडोनू तुग्गेलें हें राज्य समेंत धुव्वेक धार वत्तुनू दी.

राय : जायत कोणरे थंयीं? (मदनू येत्ता) मदना, तुग्गेल्या भावाजी चंद्रहासाक आत्तऽ ची आप्पोनू हाडी! एक क्षण जाल्यारियी तोडोवू कोर्नाक्का.

मदन : जायत, अत्तऽची आप्पोनू हाड्तां (मदनू वता)!

(पडदो पड्ता)

कुंतळ राजमार्गू

मदन : चंद्रहासू हांगा येत्ता. चांग जाल्ले भावाजी!
तुक्का रायान अत्तऽ ची येवचाक संग्ला यो, वोच्चां.

चंद्रहास : तुग्गेले बाप्सुले आज्ञेप्रमाणे देवीक पुजा कोर्नू
येत्तां. तश्शिची रायाल्यागी सांग.

मदन : (पद. राग : छि छि नारि बजारी । ताळ : अष्टताळ)

अरे प्रिया भावय्या दम्मय्या तूं दयकऽ री।।
तूं येनानात्ल्यारी। राय कोप्पत भारी। प्रिया ।।1।।

चंद्रहास : **मावांउत्तर मोणू। देवी पुजायी सोणू।।**
जिवू गेल्यारियी। हावं येत्तलों न्हयी।।2।।

मदन : **त्या जगज्जननीक । पूजन कर्ताहावं।।**
राजीवनयना तूं। राजगृहाक वच।।3।।

चंद्रहास : **इत्त्याक तूं व्यर्थ। वत्ताय कर्तात्तं।।**
घेत्तिलें काम कोर्नेत्तां क्षणानरे।प्रिया।।

मदन : **नज्झ जाल्ल्यारी बैस। मेज्जाण तुक्कास्स।।**
हाज्जे मुखारी पुरा। तुज्जेरी अतिधिरा।।4।।
आन्नान कोप्ल्यारी हावं समाधान सांगन, तेंची रायान कोप्ल्यारी
ताज्जेन आम्कां सब्बार बाधक येत.

चंद्रहास : काळीपूजा तूं कर्तकी?

मदन : निजऽची हावं कर्तां. राज्जे भंय तुक्का नाक्का.

चंद्रहास : जाय्त. हो पुजे सामानू घे.

(धोग्गयी वत्ताती)

काळीगुडी

मदन : भयंकर स्थळ हें. हांगा खंयी पळैल्यारियी अंधकारु भोर्नू गेल्ला. बरी क्रूरु हो अंधकारु, हावें कोरुंक वोच्चें काम पुण्यांचे म्होणू सुद्दा लेक्कना.

(पद. राग : अतिरुण्णा वांचवाया । ताळः आदिताळ)

दुष्ठ, हो अंधकारु भिष्टाय्ता आप्पोनू।
दृष्ठिची शक्ती पुरा। भ्रष्टाय्लि निप्पोनु।।१।।
प्रेतांच्या गर्जनेक। हात पांय कांप्ताती।।
राती धावाय्लि म्होणू। कीटक रड्ता अती।।2।।
जनहीन हें स्मशान। वन चोवनू भितीन।।
मन जाल्लां धैर्यहीन। नेण कार्य साधन।।3।।

कश्शियी धैर्य कोर्नू एकी पुजा कोर्नू यत्तां.

(हात्तांतुलो पोळेरु सकल पड्ता)

हे अपशकून पळैलारी विपरीत भंय दिस्ता. हे कात्यायनी! आम्गेले चंद्रहासाक खंचयी थराचे कष्ट येवचे आस्ल्यारियी, तुवें ते दूर कोर्काती. इत्लेंची माग्णें हावें तुज्ल्यागी. (आनी पूजा कर्तां, पोळेरू सकल दवोर्नू)

(साकी)

हे शांबवी मही। शासुरमर्धिनू। हें समर्पण तुक्का।।
दासाली फल। भक्ष्य सर्व सं ।तोषान काण धेव्का।।
आशा ही चलयी। दासाकनुदिन सुख दिवयी।।1।।
(देवीक नमस्कारु घाल्ता. मारेकार मार्ताती)
(चतुर्थाध्याय संपुर्ण जाल्लो.)

पंचमाध्यायू
दुष्टबुद्धीलें घर

दुष्टबुद्धी : चंद्रहासू काळपुजेक गेल्ला. हावें तय्यारी केल्लेलें हें वक्कद मेगेले रोगाक तरी लाग्गत.

(पद. राग : संततं सुखवंतळादेने। ताळ : पूक)

धन्य धन्य हावं भुंय्चेरी। पुण्यात्मू भारी।।प।।
हाणे एक्ल्यान गेल्यारी। अन्यकोणै नांती वैरी।।1।।
गेल्या थंयी मारेकार। पुळ्ळे न्हयी क्रूर।।
चेल्लो चंद्रहासू आनीक।
गेल्लो म्होण्का संशयित्याक।।2।।
कष्ट नात्तिलें। इष्ट सर्वयी। दृष्ठिपड्तलें।।
सृष्टिरी हे। श्रेष्ठ राज्याक। दुष्टबुद्धीची राय मण्तले।।3।।

विदूषक : (येवनू) आम्गेले रायान राज्यसभेत चंद्रहासाक धूव धारवत्तुनू दिल्ली. हावं येद्दोळू राव्ळारांतू आशिलो आनी दुष्टबुद्धी आम्चेसल्यालाग्गी खर्ची उल्लैत्ता? जाल्यारियी, माक्कानी ताक्का बाल्यदोर्नू स्नेह आस्स. उल्लोनू पोळोयां.

दुष्टबुद्धी : (विदूषकाक पोळोनू) इत्ते आय्यिलो?

विदूषक : हावें येत्तनांची लेक्लां तें.

दुष्टबुद्धी : कस्सलं तें?

विदूषक : इत्तें आय्यिलो? कोणू तूं? म्हळ्ळेले ह्या प्रश्नांक जवाब दिव्का जात्तली म्होणू.

दुष्टबुद्धी : तऽरी तूं ताक्वा तक्व जवाबयी शिक्कुनुची आय्ला दिस्ता न्हवें?

विदूषक : तें पुडेची शिक्लां हांव.

दुष्टबुद्धी : फुडें मळ्यारी केद्ना?

विदूषक : श्रेष्ठ पद्वि मेळ्ळेले वेळारी मित्रांक विसर्तल्याली दोस्ति कोर्चे पशी

फुडे.

दुष्टबुद्धी : हावं तस्सलो व्हयिवे?

विदूषक : न्हयी जाल्यारी हावं कोणू सांग?

दुष्टबुद्धी : तू मेग्गेलो मित्रू.

विदूषक : तऽ री तूं फुडें सांगिल्यालो शत्रू.

दुष्टबुद्धी : बैस, बैस, पद्दि पद्दि मळ्ळाल्मू तूं ती खब्बर खस्सली?

विदूषक : आनीकयी गुट्टु सोणा, चंद्रहासाली खब्बर तुक्का गुत्तू नां दिस्ता?

दुष्टबुद्धी : (मनांतू) : हो काळीपूजेक गेल्लोलो की? (प्रकट) तुक्का यित्लेवग्गी कश्शी कळ्ळें हें?

विदूषक : हावं यद्दोळुतायीं थयींची आश्शिलों.

दुष्टबुद्धी : (मनांतू) हो काळीपुजेक गेल्लोलो की इत्कि? (प्रकट) काम पुरा जाल्ले दिस्ता?

विदूषक : व्हयि चंद्रहासाक व्हार्डीक तायीं जाल्ली, आनी पद्दि तुक्का मेळ्यावरीची न्हहिवें?

दुष्टबुद्धी : (संतोषान) कोणे न्हयीं मळ्ळां? चंद्रहासू यक्क पेट्टाकची गेल्लो दिस्ता?

विदूषक : (आश्चर्य पावनू) कोणाले पेट्टाक?

दुष्टबुद्धी : मारेकाराल्या.

विदूषक : उल्लोनू उल्लोनू ताळ्या पशा सुक्लि. येत्त हावं.

दुष्टबुद्धी : (हात्ताक धोर्नू) कस्सलें, कस्सलें?

विदूषक : "अरण्यरोधन" कळ्वें.

दुष्टबुद्धी : चंद्रहासाक व्हार्डिक मळ्ळली कस्सली?

विदूषक : रायान चंद्रहासाक राज्यसभेत धुव्वेक धारादत्त कोर्नू दिल्ली.

दुष्टबुद्धी : खंचे चंद्रहासाक?

विदूषक : तुग्गेलो जावयिं चंद्रहासाक.

दुष्टबुद्धी : मेग्गेलो जावयिं?

विदूषक : तुग्गेल्या धुव्वे बाम्मुणू!

दुष्टबुद्धी : जाय धोर्नु मोरुतायिं परिहास्यवे?

विदूषक : व्यियिकी न्हयि निमंगि. चंद्रहासू आय्लो पळे.

... KONK... II CENTRE
विश्व कोंकणी पुस्तकालय

दुष्टबुद्धी : (चंद्रहासाक चोवनू)

(पद राग : बा बा बा बायेनुतलि । ताळ : अदिताळ)

छी, छी, छी, छी, छी, बरी नीचू तूं पुर्णा।
लोचन केल्यारी।।प।।
बुद्धिवंतु म्होनू। येद्दोळ म्होणोनू।।
पद्धति सोळ्ळिन्हवें। सुद्धि सांग्लिवे तुवें।।छी।।१।।

चंद्रहास : हावें कार्यीं चुकी कर्नि !

दुष्टबुद्धी : काळीपूजा केल्लिवे तुवें?

चंद्रहास : हावें काळीपूजेक वतना, रायान माक्का येव्हाक सांग्ला म्होणू मदनान वत्ताय कोर्नु माक्का रावळाराक पेटैलो. जाल्यारी पूजा आप्पण कर्ता म्होणू पुजेचे साहित्य घेवनू गेल्ला तो.

दुष्टबुद्धी : कळ्ळें. तुवें वोच्चुयेत, (चंद्रहासू वत्ता) मारेकाराक मदनालो गुर्तु आस्सतवे? ना! ना! काळीकालयांतू भित्तरी खंचो चेर्को यत्कि ताक्का मार्का म्होणू हुकूं दिल्ल्या हावें. अय्यो! मदना! मेज्ल्यागी एक उत्तर उल्लैनातिलें इत्त्याक अश्शीं केल्लें तुवें, पळैतां वत्तां.

(पड्दो पड्ता)

काळीगुडी

दुष्टबुद्धी : अय्यो! मेग्गेलो मदनू हांगा निद्दला.

(पद राग : कांतारवन्नेल्ल चरिसी । ताळ : अष्टताळ.)

उत्तर एक उल्लयि। दयानात्तिल्या दुष्टाक चोयि॥ पल्लवी॥
अत्याशेन पाप।कृत्य केल्लोलो बरी।।
दुष्टु आय्ला पळे। श्रेष्ठा सोडिरे दोळे॥1॥
शशिहासू आय्ला तुजल्यागी अय्यो।
विषयेक दिताक्का वग्गी॥
व्यसन ना तुज्जान। खुशी पावनू धनधान्य॥
शशिमुखा दी दान। दशवीध ब्राह्मणांक॥2॥

अय्यो! मदना! हे दुष्टबुद्धीन...

(पद राग : केट्टेनय्यो केट्टेने । ताळ : अष्ट ताळ)

कोर्नु काम गुट्टारी। मार्नु घेत्लें पोट्टारी।।प।।
पुर्ण प्राज्ञू जावनू स्वार्थु। दोर्नु पळ्ळो वाट्टेरी।।1।।
कल्लेल्या द्रोहाचो फलू। मेळ्ळो पुरा हात्तारि।।
पळ्ळो दुःखापर्वतेवनू। दुष्टबुद्धीले मात्त्यारी।।2।।
दुष्टबुद्धी म्होणू नावं। घेत्तिल्याक सार्थक।
दुष्टदुष्ट म्होणू घेवनू। सृष्टिरी वांचित्याक।।3।।

(दृष्टबुद्धी वत्ता, पड्दो पड्ता)

चंद्रहासालें अंतःपुर

(चंद्रहास, विषया आनी चंपका बस्ताती)

चंद्रहास : (पद राग : प्रिये पाहा। ताळः दादर)

प्रिये पळे। रात्री ती गेल्ली दावनू। फाल्लें जाल्लें चोयी।।
सुंदरी चो।यरुण दिल्ता।। अंधकारु भिवनू धांवता।।
थंड थंड वारेयेत्ता। मंदजाल्ले दिव्वे।।1।।
नक्षत्र निप्लिं म्होणू।। पक्षी मधूर शब्द कोर्नु।।
वृक्ष सोणू धांवतातेवनू।। भक्ष सोड्डुनूं ।।2।।

सेवक : काळी अर्चकू घाब्रिन आयला

चंद्रहास : आप्पयी ताक्का हांगा!

अर्चक : (पद राग : दुष्ट निशाचर रट्टुळि घन। ताळः ऐकताळ)

धूर्त जनांगेली। कृत्य चोयतना। जात्ता भारी भय।।
आत्तंची पुजेच्या। वृत्तीक राजी। दित्तां हें निश्चय।।
(चाल) ते – शक्तीलें देवालय ।
जाल्लां रक्तान सर्वेमय।
हरी भक्तांकायलपजय।। महाभय स्वामी।।1।।
दृष्टी पळ्ळेले। येकिभौरीसं। कष्टाची संगती।।
धानी दुष्टबुद्धी आनी। श्रेष्ठु मदनू हे।
दोग्गैं पावल्याचिमृती।।
(चाल) ती घोर भयंकर कृती। चोय्ल्यारी चुक्कत स्मृती।
ही पुर्ण चोय्यिलि स्थिती।। महीपती।। स्वामी।।2।।

चंद्रहास : कोण? कोण? आम्गेलो मदनू आनी...

अर्चक : मदनू आनी दुष्टबुद्धी. दोग्गयी पळ्याती.
(विषया मुर्छे जावनू पड्ता.)

(पड्दो पड्ता)

काळी गुडी

विषया : अय्यो मदना! सर्वगुणान युक्त जावनू श्रेष्ठ म्होणोनू घेत्तिले तुम्चेरि अस्सलें अरीष्ट कोणें हाणू घाल्लें हें! कात्यायिनी! तुग्गेले एद्रारी[1] अस्सली दुष्टकृत्यं कोणे केल्लीं आनी ही तुक्का कश्शी सहन जाल्लीं !

चंद्रहास : अत्तं दुःख कोर्नु काही प्रयोजन ना. आत्तं भक्तांक आय्यिले कष्ट सक्कड परिहार कर्तली कात्यायिनी तिज्ल्यागिची दूर दिव्यां.

(पद राग : पालिसै त्रिशूलिये मुद्दिं । ताळ : ऐकताळ)

शांभवी तू राक भजकाक। निशंभमर्दिनी।।प।।
शिष्ट जनांगेले। कष्ट सर्वयि। नष्टपावोनु। इष्ट दित्तले।।
श्रेष्ठ तुग्गेले चरण कमलांक।
साष्टांग वंदना। कर्तहावं। भक्तीन।।1।।

हे शांभवी ! तुग्गेलो दासू जावनाश्शिल्या ह्या चंद्रहासन जायतधोर्नु सूख म्हळ्ळेलें पळैनी. आनी ह्या चंद्रहासालो सहवासू कोणांक जाल्लाकी तांका सब्बार दुःख आस्स जात्ता. जाल्ले निमित्तं चंद्रहासालें हें देह तुग्गेले चरणारी आस्सो. (खांडे घळ्यारी घालनू घेत्ता.)

काळी : (प्रत्यक्ष जावनू) चंद्रहासा! राब!

वृत्त दाटी मूर्तिमंत ।।
दुष्टबुद्धी काजी मेळ्ळें कष्टपावनू जोळ्ळेलें।।
वैष्णवाक दुःख दिल्लेल्याक चोयि मेळ्ळेलें।।
श्रेष्टू तुवें भ्रांती पावनू व्यर्थ दुःख केल्लेलें।।
कृष्णभक्तू तुंची धन्य माग जायी जाल्लेलें।।1।।

---

1. एद्रारी = सामकार

तुक्क तीनी वर दिल्लाती, माग!

चंद्रहासू : (पद राग : श्रीश सुराधीश । ताळ : रूपक)

दोनी जीव। दान दी कृ।पेन शंकरी।।शुभकरी।।प।।
हें तप्पू गार्निज। तुवें। कोप्पूक नज्ज।।
तप्पू क्षमा कोर्नू हांका। आप्पयी लाग्गी।।1।।
शक्ती मन्मन। हरी। भक्तीननुदीन।।
युक्त जावशी कऽरी करुण। मुक्ती तिद्दले।।2।।

काळी : आप्पयी तांका, उटायीतले.
(दुष्टबुद्धी आनी मदनाक उटायताती)

दुष्टबुद्धी : आम्का जीवदान दिल्लेलें कोणे?

चंद्रहासू : तुम्गोले कुलदेवीन

दुष्टबुद्धी : (पद राग : नीने पोरे माते । ताळ : रूपक)

दिरे क्षमादान एक क्रूर। कर्मि दुर्बुद्धीक ।।प।।
वंचनेरी तुक्का मारुंक। लंचू[1] खर्चू केल्लेल्याक।।

वांचयिलो महानुभावू।। तुंची एकू साक्षात देवू।।1।।
सृष्टिरी तुग्गेले समान। श्रेष्ठ कोणयी चोवनू नेण।।
कष्ट पावनू आयलेंज्ञान। कृष्ण भक्तू तुंची धन्य ।।2।।

चंद्रहासू : (पद राग : अरसिक किती हासेला। ताळः अष्ट ताळ)

सृष्ठिरी सर्वप्रसिद्ध। कष्ट सुखास्पद। श्रेष्ठ प्रारब्ध ।।प।।
अंतर्य शुद्ध दवोर्का।। संतोषाकाडेची।।
भ्रांती ही सोड्का।।1।।

दिवचें दिव्वोचें रक्षण।
कोर्चे कोरोचें संपूर्ण कृष्णान।।2।।

दुष्टबुद्धी : चंद्रहासा! हें राज्य मेग्गेले चेर्डुवांका मेळका म्हळ्ळेले एक्क स्वार्थान हावें तुक्का तिनी पंता मारोची प्रयत्न केल्ली. तिनी

1. लंचू = लाच

बाधकयी तुक्का साधक जावनू राब्लिंती. हाज्जेन माक्का मेळ्ळोलो पूर्ण अनुभवू इत्तें म्हळ्यारी.

साकी

पाडकोर्नु पेल्यांक अप्पण। होडू जाय म्होणू लेक्चें।।
भीड सोणू रुक्कारी बैसुनू। आड मूळ कात्तोर्चें।।
केडू[1] चुक्कशिना। होडपण तें देक्केशिना।।1।।

हे मंगलगौरी! आम्कां आयिल्लें सर्व संकष्टयी परिहार कोर्नू तुवें आम्का रक्षण केल्लें. आनी मुखारियी तुवें आम्का सर्वांक बरेपण दीवनू रक्षण कोर्का म्होणू आम्मी माग्गुनू घेत्तांती

काळी : तश्शिची जाव्वो. आनी चंद्रहासाक पट्टाभिषेक कोर्नू सौख्यान राज्यपालन कर्या.

सक्कड : जाय्त.

चंद्रहासू : आम्कां मेळ्ळेल्या ह्या संतोषा कालारी हे कात्यायिनी स्तुती कोर्नू मंगल म्होण्यां.

सक्कड : (पद राग : भक्तप्रिया । ताळ : ऐकताळ)

सर्वेश्वरी। शुभंकरी। हे शंकरी।
भक्तांचेरी। कृपाकरी। सर्वमंगलागौरी।
ह्या कोंकणी भाषेक वृद्धि दिवै
किंकरालिच्छा पुर्ण करै।।
तू करुणान सर्वांक चलै।।
शंकरी भक्तीन तुग्गेले स्तवन करै।।1।।

श्री कृष्णार्पणमस्तू

---

1. केडू = संकश्ट

(परिशिश्ट – 1)

निवेदन

दि. बोळंतूरु कृष्ण प्रभू भाषा चळवळिचे आद्य प्रवर्तक शेणै गोंयबाबा ख्यातीचे दि. वामन रघुनाथ शेणै वर्दे वालवलीकर हांगेलो समकालीन आनी ह्या शेकड्याच्या आदिताव कोंकणी साहित्य नाटक जनप्रीय केलेलो महालेखक.

दि. कृष्ण प्रभूक मेगेलोयी गांव बंट्वाळ दालेले निम्ति मेगेल्या ल्हान प्रायदाकुनूची जाण हांव. शेळा दिवसांत तन्नि बरयिले 'चंद्रहास नाटक', 'भक्त प्रल्हाद', 'ध्रुव चरित्र' कोंकणी नाटक वाज्जुनु नाटकांत वेसुघाल्लू खेळ्ळलो उग्डासु आत्तंयी आस्स. दि. कृष्ण प्रभूंक (गावांत प्रेस्सादासोप मामू मण्तालिंती) माय भासेवयरी अगाध प्रिती आनी अभिमान. कोंकणी भासेंत तान्नी मस्त इत्ले साहित्य रचन केल्ल्या – कोंकणी भासेंत मस्त इत्ले काम केलेले मंगळूरचे भौ. मानदीक मो. अलेक्सांडार डि सोज हान्नी सांगचे प्रकार दि. प्रभू माम्माले कोंकणी नाटकाची बूक इंग्लेंड राजधानी लंडन लैब्रेरींतुयी पोळोचाक मेळताती आनी तान्नी बरेयिले अनेक नाटक द. क. जिल्ला आनी उत्तर कन्नड जिल्ल्याचे मस्त गावांत प्रदर्शन जाला. चंद्रहास नाटकांतुले 'चिंतेचे विस्तार पट्टण म्हांतार्पण' हे पद जनपदांत भारी विषाध रूपारी म्हण्तालिंती. दि. व्ही. एस. कुड्वाले कोंकणी सारस्वत हप्ताळ्यंतुयी तांगेलि मस्त लेखन येत्ताली.

चंद्रहास नाटक 1912 इस्विंतू दि. बो. कृष्ण प्रभून बरोवनु तांगेलेची विक्टोरीया प्रेस हांतुल्यान प्रकट केलेले. ह्या बुकाचें 5 वें मुद्रण 1982 इस्वींतू तांगेलो सुपूत्र दि. बोळंतूर लक्ष्मीनारायण प्रभून तांगेल्या बाप्सुल्या जन्मशताब्दि समयारी केलेले. अतां दि. कृष्ण प्रभूलो नात्तू बोळंतूरू प्रभाकर प्रभू 'चंद्रहास नाटक' बुकाचे 6 चे आवृत्ती दावनू पुनरमुद्रण कर्न कोंकणी मोगिंक वाचूंक आनी खेळूंक प्रकट कर्चे सांग विचारु. दि. कृष्ण प्रभूलो इतर कोंकणी कृत्योयी पुनर्मुद्रण जाल्यारी कोंकणी भाषेचे आदिचे आनी अलभ्य साहित्य कोंकणी वाचकांक मेळतले अशी आशा पावता.

दि. बोळंतूरु कृष्ण प्रभूले चंद्रहास नाटक बुकाचें पुनर्मुद्रण कर्चांतू कर्नाटक कोंकणी साहित्य अकाडेमी वांटो घेवचाकयी अवकाशु मेळ्ळा. हो संतोषाचो विचार. देवू बरें कोरो.

मंग्ळूर
दि. 16-11-1998

बस्ती वामन शेणें
अध्यक्ष
कर्नाटक कोंकणी साहित्य अकाडेमि

(परिशिश्ट - 2)

निवेदन

श्रीयुत बोळंतूर कृष्ण प्रभू म्हळ्ळेच्या गृहस्थान हें चंद्रहास नाटक कोंकणी भाषेन बरैलें. ह्या ग्रंथाक एकी प्रस्थावन बरोका म्होण ताणें अपेक्षा केल्ले प्रमाणी ही बरैल्या.

कोंकणी भास मराटी भाषे मण्केची संस्कृताची उपभाषा. संस्कृतांत आनी मराटींत असल्यावरी होडहोड ग्रंथ कोंकणी भाषेन बरयिले नांती. हें अमगेल्या भाषेक ऐक ऊन. तेत्ते वेळारी स्वल्प गृहस्थानी तुंड पदां कोंकणीन बरयिलें. हें ऊन निवारण कोरचे खात्तीर म्होण लेक्कुयेत. जाल्यारी होडग्रंथ बरोचाक आजीवरेक कोणयीं प्रयत्न केल्लेर्लीं दिस्सना.

ह्या गृहस्थान मात्र चंद्रहास नाटक म्हळ्ळोलो हो ग्रंथ सान जाल्ले तर्किनयी संपूर्ण जावनु आमगेले भाषेन बरोचाक केल्लेले प्रयत्न सफल जाल्लिं. जाल्ले निमित्तीं हें नाटक कोंकणी भाषेचे प्रथमलें काव्य. आनी हें बरेयिलो गृहस्थु ते भाषेचो प्रथमलो कवी म्होणचाक कांय संशय दिस्सना.

ह्या नाटकांतुर्ली पदां आयकुंकयी, म्होणुकयी बहु योग्य जावन आस्सती. ही कृती नवसांनी भरित जावन आस्स. बरेयिली शैलि बहु चंदिजावन आस्स. ह्या कवीक जनानी उत्तेजन दिल्लारी कोंकणी भास सब्बास वृद्धि पावनू आनिकयी होड ग्रंथ प्रचाराक येतीत.

मराठी आनी कर्नाटक कवींनी हेंची नाटक तांगेले भाषेन बरयिले तश्शिची आजी आमगेले भाषेनयी प्रकट जाल्लें. अश्शीची मराठी, कर्नाटक भाशेन बरयिले बदल ग्रंथयी आमका बरोचाक साध्य जायत म्हणो लेक्कुयेत. अश्शी केल्यारी त्यो भासो वृद्धी जाल्या मण्केची हिवयी वृद्धी जायत.

ही कृती बरयिलो गृहस्थ अश्शीची दुसरे ग्रंथयी बरोचाक शक्त जावश्शी हाक्का बुद्धी आरोग्य आनी आयुष्य वृद्धी जाव्वो म्होण अम्णी देवालागी माग्गुनू घेवया.

बंटवाळ पुंडरीक बाळो

(परिशिश्ट – 3)

योग्यतापत्रं

Mr. B. Krishna Prabhu Deservesh to be congratulated on his excellent production ``The Chandrahasa" a dramatic piece composed by him in the Konkani Language. I was present at Bantwal at the time the piece was put upon the stage in connection with the anniversary celebration of the `Sri Venkataramana Swamy Secondary School" and the performance was really an entertaining one a special feature of it being the actors were all young childern of the Lower Secondary department of the said school.

It is said that this is a maiden attempt of Mr. Prabhu, if so, the attempt is certainly praise - worthy one. I wish Mr. Prabhu success in his future attempts in this direction.

Sd/-
A. Srinivasa Rao, B. A. L. T.,
Asst. Canara High School

Mangalore
20-4-1912

I was present when the drama of a `Chandrahasa' in Konkani was performed in the Bantwal ``Sri ``Venkataramana Temple School" on 10th February, 1912. All the leading people of Bantwal of all castes were also present at the performance. The play in the Konkani Language by Mr. Bolanthoor Krishna Prabhu is very admirable. It was appreciated by learned men in the audience. The author really deserves every encouragement at the hands of all people speaking Konkani.

Sd/-
M. Gopal Rao
Retired Munsiff

Mangalore
29th April, 1912

I was present when the play was enacted at Bantwal. I liked it much. It revealed to me the possibilities of our mother tongue, Konkani. In the interest of the language one would wish there were more dramas written and plays enacted in Konkani.

Sd/-
A. Srinivas Pai
High Court vakil

Mangalore
29-4-1912

I was present during the perofrmance of the drama of `Chandrahasa' composed by Mr. B. Krishna Prabhu in Konkani. The drama was excellently played by the young boys and it reflects great credit on them. The composition of the drama by the author has also been very well done and it is highly spoken of by the public of Bantwal. The author needs every encouragement at the hands of the public and it is hoped that he will compose other similar dramas in Konkani language which I am sure will be well appreciated by the public who will give the author every kind of patronage and encouragement.

Sd/-
A. S. Vittal Rau
Civil Apothecary

Bantwal
3rd May, 1912

WORLD KONKANI CENTRE
विश्व कोंकणी पुस्तकालय

KONK · II CENTRE

बोळंतूर कृष्ण प्रभू, बंटवाळ
हांगेलें प्रकाशीत साहित्य

(कोंकणी)

1. चंद्रहास नाटक
2. प्रल्हाद चरीत्र नाटक
3. द्रौपदी वस्राहरण
4. ध्रुव चरीत्र
5. श्रीकृष्ण जन्माष्टमी
6. नळ चरीत्र
7. कृष्ण सत्यभामा संवादू

(कन्नड)

1. मृच्छकटिक नाटक
2. कवी जयदेव नाटक
3. सण्णवर सुबोध शतक

GOA
KONKANI AKADEMI